## दिव्यांग  व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 30 जून 2025

सामाजिक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालयान 2025 वर्सा खातीरच्या दिव्यांग  व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात.  ह्या पुरस्कारां खातीर ऑनलायन नामांकनां/अर्ज  स्वीकारपा खातीर  www.awards.gov.in  हो राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टल उघडला.

दिव्यांगजनांच्या सशक्तिकरणा खातीर उत्कृश्ट वावर करपी व्यक्तिं आनी संस्थांचो भोवमान करपा खातीर दर वर्सा 3  डिसेंबराक  दिव्यांग व्यक्तीं आंतरराष्ट्रीय दिसा हे राष्ट्रीय पुरस्कार भेटोवपात येता.

दिव्यांग व्यक्तीं सक्षमीकरण राष्ट्रीय पुरस्कारां खातीरची सोपी आनी तर्कशुध्द मार्गदर्शक तत्त्वां  खात्याच्या (www.depwd.gov.in ) ह्या वेबसायटीचेर तशेंच ( www.awards.gov.in ) ह्या पुरस्कार पोर्टलाचेर उपलब्ध आसात.  अर्ज/नामांकनां धाडपाची निमाणी तारीख 15  जूलय 2025 आसा. चड म्हायती खातीर पात्र व्यक्ती,  बिगर सरकारी संस्थां, संस्थां आनी समाज वावुरप्यांनी दिव्यांग व्यक्ती सशक्तिकरण संचालनालय,  पर्वरी गोंय हांगा संपर्क करचो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/564

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.